## मुख्यमंत्र्यान हुतात्म्यांक आर्गां ओपली

ता. 30 जानेवारी 2026

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज पणजेच्या आझाद मैदाना वयल्या हुतात्मा स्मारकाचेर पुष्पचक्र दवरून भारताच्या स्वातंत्र्या खातीर जांणी आपल्या जीणेचो त्याग केलो तांच्या उगडासाक आर्गां ओपली.

मुखेल सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पुलीस म्हासंचालक आलोक कुमार, जिल्हाधिकारी अंकित यादव, के. आर. चौरासिया, गोंय, दमण आनी दीव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष रोहिदास देसाय आनी हेर मानेस्तांनी हुतात्म्यांक आर्गां ओपली.

पुलीस पंगडान शस्त्र सलामी दिली आनी पुलीस बॅण्ड पंगडान लास्ट पोस्टची धुन वाजयली.

बाल भवनाच्या विद्यार्थ्यांनी देशभक्ती गीतां सादर केली.

महात्मा गांधी हांच्या उगडासाक 30 जानेवारी हो हुतात्मा दीस म्हूण पाळपात येता. 30 जानेवारी 1948 वर्सा महात्मा गांधीजींची हत्त्या जाल्ली.

स्वातंत्र्य सैनिक, सरकारी सचीव आनी अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/88

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.